# आंतरराष्ट्रीय पर्पल उत्सवाच्या तयारी निमतान समाज कल्याण मंत्र्याची दिल्लीत भेट

ता. 10 जुलय 2025

इंटरनॅशनल पर्पल फेस्टिव्हल- गोंय 2025 च्या तयारीचो भाग म्हूण समाज कल्याण आनी दिव्यांग व्यक्ती सशक्तिकरण मंत्री श्री. सुभाष फळदेसाय हांणी राज्य दिव्यांग व्यक्ती आयुक्त श्री. गुरूदास पावसकर हांच्या सयत नवी दिल्लीत अधिकृत भेट दिली. ह्या वर्सा 9 ते 12 ऑक्टोबर 2025 मेरेन इंटरनॅशनल पर्पल फेस्टिव्हल आयोजीत करपाचे थारायला. “Universal Design – Inclusive Thinking in Action” अशी ह्या वर्साच्या इंटरनॅशनल पर्पल फेस्टिव्हलाची संकल्पना आसा.

गोंयच्या प्रतिनिधी मंडळान दिल्लीत अनेक केंद्रीय मंत्र्यांची भेट घेवन इंटरनॅशनल पर्पल फेस्टिव्हलाक येवपाचे आमंत्रण दिले आनी गोंयच्या दिव्यांग व्यक्तिंसंबंदीत साबार विशयांचेर चर्चा केली. प्रतिनिधी मंडळान दिल्लीच्यो मुख्यमंत्री श्रीमती रेखा गुप्ता, गृहमंत्री श्री. आशिष सूद आनी समाज कल्याण मंत्री श्री. रविंदर सिंग हांचीय भेट घेतली आनी दिव्यांग व्यक्तिंचे कल्याण आनी सशक्तिकरणा संबंदीत प्रस्नांचेर चर्चा केली. दिल्लीच्यो मुख्यमंत्री श्रीमती रेखा गुप्ता हांणी पर्पल फेस्टिव्हलाविशीं उमळशीक दाखोवन अशा तरेचो उत्सव दिल्लीत आयोजीत करपा खातीर सल्लागार आनी मार्गदर्शन दिवपाची गोंयच्या समाज कल्याण मंत्र्याक विनंती केली. दिव्यांगांचे सर्वेक्षण आनी सेवा नियोजनाचेर दिवप घेवप करपाचेरय चर्चा केली.

ह्या वेळार केंद्रीय दिव्यांग व्यक्ती सशक्तिकरण विभागाचे आनी गोंय राज्यांतले संबंदीत अधिकारी उपस्थित आशिल्लें.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/597

--

-------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.